आकाशवाणी पणजेच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं

Date : 03/04/2026 प्रादेशिक खबरो 7;20 PM वाचपी :- प्राप्ती गांवकर
Panaji regional 03 APRIL 2026 7:20 am

मुखेल खबरो.

- बिट्स पिलानींतल्या मानसीक भलायकेच्या उपायांचेर जिल्हाधिकाऱ्यांकडल्यान नियाळ
- गोवा डेरीचे दर वाडोवपाचे मागणेक सरकाराचो पाचवो कंदील.
- गोंय शालान्त मंडळान घेतील्या यत्ता धावेच्या परीक्षेचो निकाल फाल्या 26 एप्रिलाक सांजे 5 वराचेर जाहीर जातलो.
- राष्ट्रपती भवनांतल्या 'आर्टिस्ट इन रेसिडेन्सी' कार्यावळींत फोंणेच्या सागर मुळे हांचो भौमान.

sushant kunkolienkar 145

मडगाव: साकवाळ हांगाच्या बिट्स पिलानीं विद्यालयातल्या विद्यार्थ्यांनी आत्महत्या केल्ल्याचे फाटभुंयेर ह्या विद्यार्थ्यांक मानसिक आधार दिवपाखातीर कितें उपाय घेतल्या हेविशी दक्षिण गोंय जिल्लोधिकारी एग्ना क्लिटस हांणी मडगावा नियाळ बसका घेतली. हे बसकेंक उच्च शिक्षण संचालक भूषण सावयकार तसेच बिट्स वेवस्थापनाचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले.
मानसीक भलायकेच्या संबंदी विद्यार्थ्यांक आदार दिवपा खातीर बिट्स कॅम्पसांत चोविसय वरा समुपदेशन केंद्र उक्तें दवरचें, आनी बिट्स अधिकाऱ्यांनी विद्यार्थ्यांक मानसीक आदार दिवपाक आनी नेमान तांचेकडेन समन्वय दवरचो अशी सुचोवणी केली. तशेंच विद्यार्थ्यां खातीर योग, खेळां सर्ती आनी भलायकी शिबिरां आयोजीत करची सुचोवणी मुखार आयली.

धावी परीक्षा निकाल 22

गोंय शालान्त मंडळान घेतील्ल्या यत्ता धावेच्या परीक्षेचो निकाला फाल्या 26 एप्रिलाक सांजे 5 वराचेर पर्वरी हांगा शालान्त मंडळाच्या मंथन सभाघरात जाहीर जातलो.

prasad pai 147

गोवा डेरीचे दर वाडोवपाचे मागणेक सरकारान पाचवो कंदील दाखयला. सरकार गायेच्या दुदाचो दर 6 रुपयान जाल्यार म्हशीच्या दुदाचो दर 10 रुपयान वाडयतले, अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दुद उत्पादकांक आस्वासन दिलां. एप्रील सावन दुद

उत्पादकांखातीर दर वाड चालीक लायतले अशी म्हायती भारतीय किसान संघाचे अध्यक्ष संजीव कुंकळ्येंकार हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.

दुद उत्पादकांनी मार्चांत दर वाडोवपाची मागणी करून निशेध केल्लो. त्या वेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दुद उत्पादकांक आपूण दर वाडयतलों अशें आस्वासन दिल्लें.
दुद उत्पादकांक आधारदर वेळार दिवपाचो निर्णय मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी घेतला. 22 मेक जावपी कार्यावळींत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत ही घोषणा करतले अशें संजीव कुंकळ्येकार हांणी सांगलें.

89 सागर मुळे

राष्ट्रपती भवनांतल्या ‘आर्टिस्ट इन रेसिडेन्सी’ कार्यावळींत फोंणेच्या सागर मुळे हांचो कावी कला तिगोवन दवरपा खातीर ताणी केल्ल्या अमूल्य योगदाना खातीर भारताच्यो राश्टपती द्रौपदी मुर्मू हाणी , भौमान केला.

गोंयच्या कावी कला ह्या पुर्विल्ल्या सांस्कृतीक दायजाची तोखणाय राश्टपतीन केली आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर ही खाशेली परंपरा जिवी दवरपा खातीर सागर मुळे हांणी केल्ल्या समर्पित यत्नांची तोखणाय केली.

ह्या भौमान सुवाळ्यावेळार 10 दीस दील्लीत राबीतो जालो, हर कलाकारांच्या कलेवीशी म्हायती मेळ्ळी. हो गोंयच्या मातयेन रूजील्ल्या कावी कलेचो आनी गोंयचो भौमान स्विकारतना खुब खोशी जाली अशे ह्यावेळार कलाकार सागर मुळे हांणी म्हणला.

Byte - sagar Mule- 24 sec

कर्मचारी भरती 65

कर्मचारी भरती आयोगातर्फे पुलीस शिपायांच्या 500 पदांसयत सातशेणव पदांखातीरची पयली सीबीटी परीक्षा 16 मे, 17 मे, 24 मे, 30 मे आनी 31 मे अशें 5 दीस जातली. कर्मचारी भरती आयोगान 13 फेब्रुवारी 2026साक ह्या पदांखातीर अर्ज मागोवपी जायरात दिल्ली.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावर्वी आयकतात.
आता मुखावयल्यो खबरो.

‘आयुष’ विभाग 169

सरकारान ‘आयुष’ विभाग स्थापन करपाची घोशणा केल्या. सामान्य प्रशासन खात्यान हे विशीं अधिकृत आदेश जारी केला. एकोणिसशे सत्यांशी वर्साच्या वेवसायाच्या नेमांत दुरुस्ती करून गोंय सरकारान हो नवो-आनी अठ्ठावन्नावो विभाग तयार केला. आतां ह्या खात्याचेर देखरेख दवरपा खातीर एक समर्पीत मंत्री नेमतले अशे म्हणला.  ह्या खात्या वरवीं ‘आयुष’ धोरण तयार करपाखातीर तशेच आयुर्वेद आनी होमियोपॅथी क्षेत्राची उदरगत वाडोवपा खातीर गरजेचे उपाय हातांत घेतले.

आयुश खातें राज्याभितर सध्याच्या आयुश हॉस्पिटल आनी दवाखान्यांचेर नियामक नियंत्रण दवरतलें. तशेंच राज्यभर आयुश निरोगीपण केंद्रां स्थापन करपाची येवजण सरकारान जाहीर केल्या; हीं केंद्रां स्थापन करपाची जापसालदारकी आयुश खात्याचेर आसतली. तशेंच आयुश शिक्षण, संशोधन, आनी प्रशिक्षण सुलभ करपाचो तशेंच आयुश आदारीत उपचारां भोंवतणी केंद्रीत पर्यटनाक चालना दिवपाचोय खातें यत्न करतलें

एडगर रिबेरो 55

नामनेचे नगर नियोजक एडगर रिबेरो हे आयज संसाराक अंतरले. ते 96 वर्साच्या पिरायेचे आशिल्ले. भारत सरकारचे मुखेल नगर नियोजक म्हूण ताणी वावर केला. शारांची रचणूक आनी नियोजनात ताणी व्हड योगदान दिला. तांचे मरणाक लागून मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दुख उक्तायला. निवृत्त जाले उपरान दिल्लीच्या स्कूल ऑफ प्लॅनिंग अँड आर्किटेक्चरचे संचालक म्हूण ताणी वावर केला.

गौतम खट्टर 63

गौतम खट्टराक गोयात हाडटले. वास्को हांगा परशुराम जयंती निमतान जाल्ले कार्यावळीत आक्षेपार्ह भाशणा खातीर गुन्याव नोंद जाले उपरात गौतम खट्टराक कुल्लू हांगा हिमाचल प्रदेश पोलिसांनी ताब्यात घेतला. गुन्याव फाट्याचे पोलीस ताका गोयात हाडपा खातीर हिमाचल प्रदेशात गेल्या. पोलीस ताका गोयांत घेवन येतात, अशी माहिती पोलिसांनी दिली.

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन व्यंगचित्र कार्यशाळेचें आयोजन

121 व्यंगचित्र प्रात्यक्षिक

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नामनेचे व्यंगचित्रकार सर्गेस्त मारियो मिरांडा हांच्या जल्म शताब्दी वर्सांच्या कार्यक्रमाचो एक भाग म्हूण व्यंगचित्र प्रात्यक्षिक आनी  कार्यशाळेचें आयोजन केला. व्यंगचित्र प्रात्यक्षिक तथा कार्यशाळेत कला विद्यार्थ्यी/हौशी कलाकांर आनी 12 वर्सां पिराये वयली भुरगीं वाटो घेवपाक शकतली. तीन दिसांची कार्यशाळा 28 ते 30 एप्रिल 2026 मेरेन दनपारां 2.30 ते सांजेची 5.30 वरा मजगती संस्कृती भवन, पणजी पाटो हांगा आयोजीत करतले. चित्रकलेची आवड आशिल्लें विद्यार्थ्यी आनी हौशी कलाकारांक व्यंगचित्र कला शिकपाची संद मेळटली.

Announcement 40

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल मेरेन अर्ज करू शकतात तशेच आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर  नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. अर्ज  करपाक निमणी तारीख 17 मे अशी आसा.

हवामान

गोंयांत फुडल्या सात दिसांत हवामानांत बदल जावपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. 25 आनी 26 एप्रीलाक उत्तर आनी दक्षिण गोंयच्या कांय वाठारांत वराक 30 ते 40 किमी वेगाच्या वादळी वाऱ्यासंयत वीज पडपा वांगडा, पावस पडपाची शक्यताय आसा.

ते भायर ह्या दोन दिसांनी उश्ण आनी दमट हवामान आसतले. हवामान खात्याच्या अदमासाप्रमाण सुरवातीच्या दोन दिसांनी yellow alert मेळपाची शक्यताय आसा.

फुडल्या सात दिसांत गोंयांतलें तापमान सादारणपणान सामान्य पातळे भितर उरतले. कांय वाठारांनी मात्शे उतार-चढाव-एक तर वाड वा उणाव- दिसूं येतात अशे हवामान खात्यान उक्तायला.

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

- बिट्स पिलानींतल्या मानसीक भलायकेच्या उपायांचेर जिल्हाधिकाऱ्यांकडल्यान नियाळ
- गोवा डेरीचे दर वाडोवपाचे मागणेक सरकाराचो पाचवो कंदील.
- गोंय शालान्त मंडळान घेतील्या यत्ता धावेच्या परीक्षेचो निकाल  फाल्या 26 एप्रिलाक सांजे 5 वराचेर जाहीर जातलो.
- राष्ट्रपती भवनांतल्या ‘आर्टिस्ट इन रेसिडेन्सी’ कार्यावळींत फोंणेच्या  सागर  मुळे हांचो भौमान.

इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो

आमचे फुडले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी सात जावन पंचवीस मिंनटाचेर.